एकांताचीं उतरां

सुदेश शरद लोटलीकार

1516
P → Dev
SUD

सुदेश लोटलीकार हांका मेळिल्ले साहित्य पुरस्कार

१९८७ – बा. भ. बोरकर, साहित्य पुरस्कार (मुंबई)

१९८९ - कै. अनंत काणेकर साहित्य पुरस्कार (मुंबई)

१९९० - कोंकणी भाषा मंडळ साहित्य पुरस्कार (गोंय)

१९९५ - गोवा कला अकादमी साहित्य पुरस्कार (गोंय)

१९९८ - यशवंतराव चव्हाण साहित्य पुरस्कार (पुणे)

१९९८ - गोमंतक मराठी अकादमी साहित्य पुरस्कार (गोंय)

१९९८ - गोवा कला अकादमी साहित्य पुरस्कार (गोंय)

१९९८ - भैरूरतन दमाणी साहित्य पुरस्कार (सोलापूर)

१९९८ - गोमंतक विद्यानिकेतन साहित्य पुरस्कार (गोंय)

१९९९ - कविवर्य रा. ना. पवार स्मृती साहित्य पुरस्कार (सोलापूर)

१९९९ - कैफी आझमी श्रेष्ठता पुरस्कार (पुणे)

A
1361

एकांताचीं उतरां

001516
1516
P -> Dev
SuD

सुदेश शरद लोटलीकार

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
A 1361
Acc. No.

ॐ श्री दत्त पद्मजा प्रकाशन

❑ एकांताचीं उतरां
(कविता संग्रह)

❑ सुदेश शरद लोटलीकार

❑ प्रकाशन क्र.: 61

❑ पयली आवृत्ती : 2008

❑ ©सौ.शर्मिला सुदेश लोटलीकार

रामनाथी, बांदोडें,
फोंडें - गोंय ४०३४०१
फोन : (०८३२) २३३५२६७

❑ मुखचित्र आनी भितरलीं रेखाचित्रां:
कु. सानिया सुदेश लोटलीकार

❑ छापणावळ :
स्वर्णमुद्रा प्रिंट्स,
माशेल, गोंय

❑ उजवाडावपी :
मिलींद कमलाकर म्हाळशी
ॐ श्री दत्त पद्मजा प्रकाशन,
श्रीस्थळ, काणकोण, गोंय
फोन : २६३३३३४

❑ मोल : 70/- रुपया

EKANTACHIM UTARAM
(Collection of the Poems)

Sudesh Sharad Lotlikar

Publication No.: 61

First Edition : 2008

G, SUD' P08

© Mrs. Sharmila Sudesh Lotlikar

Ramnathi, Bandoda,
Ponda - Goa 403 401
Ph.: (0832) 2335267

Cover Page & Sketches
Miss Saniya Sudesh Lotlikar

Printing :
Swarnamudra Prints
Marcela, Goa

Publisher :
Milind Kamalakar Mhalshi
Om Shri Datt Padmaja Prakashan,
Shristhal, Canaudna, Goa.
Ph.: 2633334

Price : Rs. 70/-

(हें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादेमीच्या 'साहित्य-प्रभा' अर्थीक पालव येवजणेखाला छापला.)

- शर्मिलाक.....

भुरग्यांचें, घराचें,

म्हजें, सुण्यांचें

करता म्हणसर

तुजें म्हूण किदें उरता ?

तूं नाशिल्लें जाल्यार

हें कांयच घडचें नाशिल्लें.....

पूर्वप्रसिध्दी : सुनापरान्त, उर्बा

सुदेश शरद लोटलीकार हांचे कवितासंग्रह

अभोगत (मराठी)

पैस (कोंकणी)

अवतरण (मराठी)

एकांताचीं उतरां (कोंकणी)

'एकांताचीं उतरां' चें श्रेय दितां हांव

पदमभूषण रवीन्द्रबाब केळेकार,

शर्मिला लोटलीकार,

'सुनापरान्त' चे संपादक संदेश प्रभुदेसाय,

'सुनापरान्त' परिवार,

कमलाकर म्हाळशी, सानिया लोटलीकार

आनी मिलींद तिंबले हांकां.

WORLD KONKANI LIBRARY

Accn No: 001516

'एकांताचीं उतरां' तल्यो

चडश्यो कविता, 'तिकली' ह्या नांवान

'सुनापरान्त' ह्या दिसाळ्यांत

उजवाडाक आयिल्ल्यो आसात.

– सुदेश शरद लोटलीकार

येवकार

ताज्या टवटवीत कवितांचो 'पैस' कविता-झेलो घेवन १९९० वर्सा सुदेशान कोंकणी कवितेच्या मळार पावल दवरिल्लें. ह्यो कविता म्हळ्यार, कवीच्याच उतरांनी, 'एका दिगंतखोल उड्डाणाच्या ध्यासाच्यो जाणिवो'.

एका कवीक कवी म्हूण आपणाल्या अस्तित्वाची जाल्ली अस्वस्थ जाण 'पैसा'तल्या कांय कवितांचो विशय जावन आयल्या. ह्या झेल्यांत एक सुंदर कविता आसा, 'वादळ' नांवाची. ती मुजरत हांगा दीन दिसता -

वादळ

माई, म्हजी जाण्टी आज्जी,
तंबाकूची पींक घोळयत म्हाका विचारता :
'बाबा.... तूं असो थंड कित्याक रे ?
कांयच करचोना म्हणून रावला ?'
हांव उश्णी उमेद हाडून सांगतां :
''आगे तूं भियेल्या कित्याक ?
म्हजी ही शांतताय म्हळ्यार
वादळ जावपा पयलींची विखाळी स्तब्धताय....
मातशी राव....मोडां येतलीं, वारो खळटलो
आनी ल्हारांल्हारांतल्यान फणो उबारून
फोंसणां घालीत दर्या चळटलो....
म्हजें वादळ अशें जातलें.... झाडांपेडां मुळांतल्यान हालतलीं.''
हें आयकून
म्हजी आवय सुस्कारो सोडीत
एक थंड नदर म्हजेर मारता.

माई, म्हजी आज्जी. तकलेर हात घेवन परवंत म्हणटा :
''पुता म्हज्या.... तें वादळ....
हांव जिती आसासर तरी पळोवंक मेळत मरे ?''
तिगेल्या ह्या उतरांनी हांव कांचवेतां
मोटे आशेन म्हज्या सपनांकडें
आनी कवितेकडें पळयतां :
म्हज्या सपनांचीं कुकुली पिलां
आनी कवितेचीं गुबगुबीत पोरां
काकुटेक येवन
चोरयांनी म्हजेकडेन
पळोवं लागतात;
तीं हिमटी काडून
आत्तां हुंडक्यांनी रडटलीं काय दिसता.
हांव गोंदळटां आनी येवजितां :
थंय रानाक उजो लागिल्लो आसतना
हांव ह्या घोटेरांतल्या शेवण्यांक
पाखांच्यो गजाली सांगूं तरी कसो ?
आनी हांगां तर म्हजी जाण्टेली आज्जी
म्हजें वादळ पळोवंक रावल्या....!
ह्या सगळ्या बोवाळांत ;
काचाबूल जाल्ल्या म्हज्या सपनांच्या पिलांक
आनी देळयांक आयिल्ल्या कवितेच्या पोरांक
थातारीसर
म्हाका नाका शेवट जाता....

पैसांतल्यो चडश्यो कविता ह्या 'वादळा'चे कुळयेंतल्यो. देखून

जायत घडये, ह्या झेल्यांत एकूय 'मितभाषी' कविता ना.

'एकांताचीं उतरां' वादळ वा दडक उलगले उपरांत थंडायेंत एक एक करून पडपी ओथांब्यां वरी. ह्या झेल्यांत एकांताचेरूच कांय कविता आसात. देखीक,

१. एकांत
सुखाचें देणें
एकटेपण
एक दुखणें (पान १८)

२. एकांताची
शक्त
आकांताची (पान ३३)

३. आकांत करूंक
वेळ नाका
एकांत घडोवंक
वेळ वता (पान ४३)

४. हो एकांत
न्हय जीवघेणो
हो एकांत
उतरांचो कणो (पान ४४)

५. एकांताक
आमीग कर
मनाक तुज्या
चिमटेंत धर (पान ९०)

ह्या एकांताची ओड लागिल्लोच म्हणूंक पावता,

नो लाईट्स
नो साऊंड
नो कॅमेरा
नो ॲक्शन
फकत.... सायलन्स ! (पान ५६)

वा,
भायर सरून बेकार कसो
किद्याक भोंवूं जगाक सोदीत ?
साटली-पोटली घेवन रावूंक
जग म्हजे आयलां कुडींत ! (पान ५८)

दर्यादेगे वयल्यान दर्या उंचबळ दिसता. पूण तारूं दर्यात भितर व्हरून पळेयात, दर्या संथ, धीर गंभीर दिसतलो. दर्याचो हो 'मूड' 'एकांताच्या' कांय 'उतरां' नी अचळय देंवला.

'पैस' कविताझेल्यांत 'एकांत' उतर मेळना. पूण त्योय कविता एकांतांतूच जल्मा आयल्यात. हांतल्या कांय कवितांनी कवीची आजी येता, आवय येता, बापूय येता, तांगेल्या घरांत घोळपी वावराडी येता. कवी हांचे मदीं आसा, पूण तो हांचे भितल्लो कसो न्हय, तो तांचे पसून पयस पूण आपले आपणा सरीं कसो आसा, हाचेरूच हे निजी जिणेंतले संदर्भ उजवाड घालतात. दोनूय कवितां झेल्यात एक फरक जाणवता - 'पैसा' तलो कवी एकांतांत अस्वस्थ, जाल्यार 'एकांताचीं उतरां' तलो कवी एकांतांत शांत. देखून तो साक्षात्कारी मनशा वरी इल्लोसोच उलयता. मातूय अनमन नासतना, कवीच्या अधिकारान तो सांगता,

विचार म्हळ्यार वखद
कविता म्हळ्यार म्होंव
हांव म्होंवांतल्यान वखद दितां ;
मनाचो जोर काडूंक (पान १४)

हो 'अधिकार' होलमल्ल्यान कवीचीं उतरां मदीं मदीं म्हणीचें रूप घेवन येतात. देखीक -

१. ल्हारांवांगडा खेळटा
तो वेळेरूच उरता
न्हंयेवांगडा व्हांवता
तोच दर्यात पावता (पान ३)

२. मरचें
पानांभशेन
जगचें
मुळांभशेन (पान १८)

३. भायली खिळी
काडली
भितरली खिळी
उरली (पान २१)

४. सगळ्यांचोच देव
भेश्टयता
आनी भिल्ल्यांक
कश्टयता (पान ४२)

लोक जे वाटेन वता तेच वाटेन सरसमान मनीस वचूंक सोदता. हीच खरेली वाट अशें ताका दिसता म्हूण न्हय. लोकांच्या सांगातांत रावलो म्हणटकूच आपूण सुगूर, सुरक्षीत आसां अशें दिसता म्हूण. तो एकलो पडपाक भियेता. 'एकांताचीं उतरां' तलो कवी मात लोकाच्या सांगाताचे ओडीची ही पोकळसाण वळखता. देखून तो केन्ना केन्ना वेगळेंच कितें सांगूंक पावता. सुदेशाच्यो ह्यो कविता पळेयात,

१. मरण ना मळबांत
मरण ना मसणांत
मरण जगता दर खिणाक
जित्या जिव्या काळजांत (पान ५०)

२. माडावयल्यान
उडी मारूंक जो भिना
तो केन्नाच जीव दिना (पान ६९)

जिवितांत खोलायेन देंवंक सोदपी मनशाक संवसारांत रावनूय संवसारा भायर रावंक येवंक जाय. संवसारांत रावनूय जो आपणाक तातूंत घुसपावन घेना ताकाच संवसाराचीं सगळीं धोंगा- पोंगां दिश्टी पडटात. आनी ह्या धोंगा - पोंगांचीं फकाणांय मारूंक येतात. सुदेशाक ही संवसारा भायर रावपाची कळाशी बरी सादल्या तातूंत दुबाव ना. 'एकांताचीं' ही 'उतरां' पळेयात -

१. कितले भोंवतात हे पांय !
मनशाचो मेंदू
व्हीलचेअराचेरूच ! (पान १)

२. गांधीजीची
याद आयली

बोल्सांतल्यान
नोट काडली (पान ३०)

३. चवथीचे दीस
फोगोट्यांचो वास
गोंयकारांक जातात
उजवाडाचे भास (पान ४१)

४. कितें केलें ?
पुनवेक जल्मलो
उमाशेंत जगलो
जिळमिट्यार मेलो (पान ६२)

५. देव जाला
काळखाची कोठयेकूड ;
भंय दिसलो की
थंय वचून लिपप (पान ७४)

आनी हे कांय 'प्रस्न' -

१. लोक 'निवडून'
दितात ते
फातरांतले तांदूळ
काय तांदळांतले फातर ? (पान ४०)

२. ह्या काळखाक
आमी उजवाड म्हणटाले ?
ह्या पिशेपणाक
आमी गिन्यान म्हणटाले ? (पान ४५)

३. उजवाती
परमळ फांकयतात
काय
घाण लिपयतात ? (पान ५७)

ह्या 'एकांता' च्या नेटारूच कवी हेरांक अधिकारान सांगता -

१. फाल्यां म्हळ्यार
भीक
आयचें आज
करूंक शीक (पान १७)

२. आठ दिसांत
वतली नदर
अशें समजून
जगाक पळय (पान १९)

३. आमचेच भिरांतेची
आमकां पडल्या वंय
वेंग मार भंयाक
मोगाक भिता भंय (पान ५२)

एका इंग्लीश कवीन म्हळां, ' A poem should not mean but be'. कविता पयलीं कविता आसपाक जाय, अर्थ-बीर्थ सगळें मागीर. देखून कवी म्हणटा,

उतरां कळनात
तेन्ना

अर्थाचे सूर
आयकुचे (पान ३५)

'पैसां'तले 'हांव : सुदेश लोटलीकर' हे कवितेत सुदेशान अनमनत अनमनत बापायक, घरच्यांक आनी आपणाल्या बरें मागप्यांक आपणाली वळख करून दिल्ली - सुदेश शरद लोटलीकार (कवी) म्हूण. 'एकांताच्या उतरां' नीय तो सांगता,

म्हजी कविता;
हांव जितो आशिल्ल्याच्यो खुणो
उतरां सोडून उरता तो
बाकी हांव लुणो (पान ७५)

सुदेशाक 'एकांता' चें भाग्य मेळूं, ताची उतरांची साधना खंड पड नासतना चलत उरूं आनी कोंकणी सरस्पत समृद्ध जायत वचूं अशें मागणें.

६.४.२००८ **पद्मभूषण रवीन्द्र केळेकार**
संवसार पाडवो
प्रियोळ - म्हादोंळ
गोंय.

And when you reach

to the very last core of your being,

there is suddenly an explosion.

You have encountered yourself;

You have seen your face in a mirror.

You have recognized who you are.

- OSHO



गुलाबान
जळूंक जायना
उज्यान
फुलूंक जायना

००००

कितले भोंवतात हे पांय !
मनशाचो मेंदू;
व्हीलचेअराचेरूच

००००

मन तें
जें रोखडेंच येता
रस्त्यार

००००

आतां
होळी म्हजी
रंगार ना तुमच्या !

घरधनी तो न्हय
जो म्हण्टा 'येयात येयात'
घरधनी तो
जो म्हणूंक शकता
"चलूंक लागात"

०००००

तोखणायेच्या शेसरांनी
अडेचो जरी काडलो भार
शबै घालून फुललो म्हूण
गायणोळाचो जायना हार !

०००००

गोंय म्हजें
भांगरसाळें
दर्यातलो सूर्य कशें ;
दोळे भरून चोवपाचें
हात लावंक मेळचें ना !

ल्हारांवांगडा खेळटा
तो वेळेरूच उरता
न्हंयेवांगडा व्हांवता
तोच दर्यांत पावता

००००

खांदार माल्ला साक
आनी फाटीक पडल्या बाग ;
भुरगीं जाल्यांत गाढवां
आनी मास्तर जाला वाग

००००

दोळ्यांत तेल घालून
हांवूच म्हाका तेळटां
खंयूंय खुट् जाल्यार
मनाचो कान पिळटां

००००

साक्षी हांव
दुख्खा ;
फकत
पळोवप तुका !

एके रातीचो
'वीर-भद्र' ;
दुसऱ्या दिसा
'दळभद्र'

०००००

तिचे वाटेक वचूं नाकात
फट् करून घालीत गाळ ;
म्हजेंच वीख पचोवन आतां
तिवूय बाबडी जाल्या विखाळ !

०००००

भायलीं दारां
बंद जालीं ?
आतां तरी
भितर यो !

०००००

आमी 'शिर' वंत
'लॅसॅप्सो' सुण्यावरी ;
दोळ्यांर केंस
गळ्यांत सरपळी !

परमेश्वर

चंवरता ;

सुक्यासड्या रेंवटार लेगीत

आनी म्हण्टा

खा म्हाका .....!

०००००

स्वासांचे घास

मोगान भरोवन

कोण आमकां गरयता ?

०००००

आमी जंय

आसपाक जाय

थंय नासतात ;

हेंच दुख्ख

०००००

जीण गिरयता

चित्ताची भाशा ;

गावल्यार दिशा

नाल्यार दशादशा !

मास्तराक पळोवन
नोटीवयलो गांधी हांसता
भुरग्यांक पळोवन
पुस्तकांतलो गांधी रडटा

○ ○ ○ ○

एका एका खिणाचो
एक एक घण
घड्याळ घडयता
खिणयाळी जीण

› › › ›

सादूर मदूर उतर म्हजें
वाऱ्यावांगडा भोंवतलें
गिन्यानाचे वांकडे फातर
घुमटे-भितर उरतले

› › › ›

मन तें ;
जें खिणात लागता गोळाक
आनी
खिणांत धरता गळ्याक !

कोणाक पडलां
कोणाचें हांगा
फकत पड्टात नाल्ल ;
तकलेर पडूंक जायना जाल्यार
बेगीन हांगचो हाल....

०००००

गाय सांगता मोन्यानी
उमेदीन चरतना ;
मान सकल घालेबगर
खावपाक मेळना

०००००

शारदेच्यो मूर्त्यो
कागदाच्या तळपा आड
उतरांच्या घायांनी
एक एक चिरून काड

०००००

वाऱ्याचें आंग
ल्हार ;
मनाचें आंग
संवसार

पावसाच्या
एका थेंब्यानूय
गोंदळटा पान ;
तशें म्हजें मन

› › › ›

उजो
भुंयेच्या पोटांत
उदक
भुंयेच्या दोळ्यांत

› › › ›

कितें खरें कितें फट
सांगतले - धा जाण
हांव कोण हांव केदो
सांगतली म्हजी जाण

› › › ›

पाखां दी
सोबेखातीर
बळगें दी
उडपाखातीर

फुलू खुस्तार झाकता ताका
म्हणचो न्हय बुदवंत
खुर्चे नांवान मागता ताका
म्हणचो न्हय धनवंत

००००

वर्साच्यो फोगोट्यो
दर एकल्याच्या हातांत ;
सदाचें दुख्ख लिपलां
गणपतीच्या पोटांत

००००

काळजांतलो
सर्ग गाठूंक
सुताचीय गरज ना
नरकांतूच सूख तांकां ;
सर्गाचें मोल ना

००००

स्वासाचेंच
वेसन म्हाका
खिणाखिणाक
स्वास पितां !

सद्दां उठून हो कोगूळ
रडटा काय गायता ?
सद्दां उठून हो मनीस
जगता काय मरता ?

०००००

उतरांचीं मडीं उबारून व्हरपाक
लांब लांब वळींच्यो
कितल्यो ह्यो तिरड्यो !

०००००

गुणांचीं गोरवां
आनी प्रतिभेचीं बोकडां
फकत आसलीं म्हूण जायना ;
तांकां आमुडचेंय पडटा.....

०००००

मारूंक उबारिल्ल्या हाताक
आशीर्वाद म्हणूंक शीक
मुखांनी घाल्ल्या गाळयांक
अपुरबाय म्हणूंक शीक

फांतोडेचेर
ज्युस्त एका खिणाक
खंयच्यान तरी
कांय खीण
नेमान आयकूंक येवपी
घांटीची किणकिण ;
तसो म्हजो बापूय !

०००००

रानवटी मुसांचो धर्म
दुखयल्यार कुसां मारपाचो
मूर्ख मनशांचो धर्म ;
दुखयलेबगर कुतां काडपाचो

०००००

तूं व्हड जाला
काय
हांवूच ल्हान जालां ?
तूं म्हजेर रागार
काय
हांवूच तुजेर फुगार ?

दुसऱ्याक जिखपाखातीर
ताचें बरें उलोवंक शीक
स्वताक जिखपाखातीर
आपलीं धोंगां मेजूंक शीक

› › › ›

केंसांतली ऊ
तशीच तूं
सासपिल्यार गावना
तकली खावपाचें सोडिना

○○○○

उतर हाताक लागना
मनाक लागता
देव मनाक लागना
आवयच्या काळजाक लागता

○○○○

तुजे निळे दोळे
आजून आसात पाठ
थंड नितळ तळी
आनी कमराचो काट

म्हेळ गरीब भुरगीं
अजून घाणींत खेळटात
भारताचे हात-पांय
अजून कित्याक लोळटात ?

› › › ›

दिव्याक जर
फुटले दोळे
दिव्याचें जग
उजवाडायेदें

› › › ›

घरचो कोणी मरता तेन्ना
बारा दीस सुतक
मेल्लेभशेन जगता ताका
बाराय म्हयने सुतक

› › › ›

हतयार बसून
आयलो
आनी गाढवार बसून गेलो !

विचार म्हणल्यार वखद
कविता म्हणल्यार म्होंव
हांव म्होंवांतल्यान वखद दितां ;
मनाचो जोर काडूंक

○ ○ ○ ○

गिरेस्तकाय
पचून पचना
गरिबी
वचून वचना

› › › ›

मन गेलां हेडूंक
चित्त गेलां फिरूंक
अशा वेळार वतां हांव
म्हजे 'म्हाका' मेळूंक

› › › ›

छाती मुखार काडली म्हूण
हनुमान जायना
माथें उंच केलें म्हूण
मनीस म्हान जायना

सूख गायचें दूध कशें
ओडून ओडून काडचें पड्टा
दुख्ख गायचें शेण कशें
खंयूय गेल्यार सापड्टा

०००००

आसा तें
लिपोवं नाका
ना तें
खपोवं नाका

०००००

मन तें ;
जें दुसऱ्यांक रडयता
म्हणसर
आपूण रडपाक लागता

०००००

कवितेच्या ल्हारांनी
गिन्यानाची वणत उडयली मोडून
आनी गिन्यान लागलें व्हांवूंक
ल्हव जावन
कवितेवांगडा.....

आवयची तिकली
चंद्रायेदी
आवयचें मन
मळबायेदें

०००००

हांव भुतकाळांत जगना
हांव फुडाराक रडना
आसल्यार हांव आसां
आतां आनी हांगा

०००००

ल्हारां
एक़ार एक येतात ;
दर्या
कोणाक बुडोवंक सोद्ता ?
तो तर
कासवाच्या पिलाक वेंगावंक
फुडें फुडें करता.....

०००००

बायल उलयना
तेन्ना
आयदनां उलयतात

दुखवाचीं मुळां
काळजांत लिपय
सुखाचीं फुलां
ओंठार फुलय

› › › ›

फाल्यां म्हळ्यार
भीक
आयचें आज
करूंक शीक

› › › ›

खोशयेचीं दुकां
दोळ्यांतल्या दोळ्यांत उरतात
दुखवाचीं दुकां
पोल्यावयल्यान गळटात

› › › ›

आवयचें वाडप
सदळ हातान
बायलेचें वाडप
सादूर हातान

दुखवाचे हुनसाणेर
सुखाची साय
जिणेचो पेलो
ओठांक लाय

› › › ›

एकांत
सुखाचें देणें
एकटेपण
एक दुखणें

› › › ›

झाड पुराय वाडटकीरूच
मुळांक
पकदस्त 'अर्थ' येता

› › › ›

मरचें
पानांभशेन
जगचें
मुळांभशेन

आठ दिसांत
वतली नदर
अशें समजून
जगाक पळय

› › › ›

दुखयलेबगर
आमकां जाग येना
तिडयलेबगर
आमकां राग येना

› › › ›

काळीज म्हणटा
बरय
मन म्हणटा
भरय

› › › ›

म्हाका
भरयता
तो
भारत

सोद्तां सोद्तां
गावता वाट
बसता ताची
लागता वाट

› › ○ ›

मन दसलां
पालीवरी
म्हज्या अस्तित्वाचे
वण्टीक

› › › ›

जल्म
एक अपघात
मरण
एक येवजण

› › › ›

आमची आमीच
घालुंया समजूत;
खोशी जा
आसा तातूंत

मुठीयेदें
काळीज तें ;
आयक आयक आयकता
निमाणेंकडेन खुबळटा

› › › ›

ओगीच काडपाचीं म्हूण
काडूं नाका कुतां
केल्लें जाल्लें गेलें व्हांवून
जालीं ताचीं भुतां

› › › ›

फूल म्हणलें म्हूण
फूल फुलना
ओगी राव म्हणलें म्हूण
मन रावना

› › › ›

भायली खिळी
काडली
भितरली खिळी
उरली

मान बागोवन बागोवन
मान तुट्टली काय दिसता
लोकशाय आसून लेगीत
लोकशाय न्हय कशी दिसता

०००००

हांगा कोणाकूच ना
बसका खरी
पृथ्वी आसा
अधांतरी

०००००

जो दुडवांनी घड्टा
तो दुडवांबगर मरता
जो उतरांनी घड्टा
तो मरुनूय उरता

०००००

आमीच तो सादोवचो
उतरांचो मेळ
हेरांनी वगडावचो
फुकटचो वेळ

तिरायत जावन
जो आपणांक पळयता
तोच स्वताक
ओळखूंक पावता

› › › ›

कवी म्हणल्यार
कोल्ली वेपार
काल दुख्खी
आयज नेटार

› › › ›

कल्पनेची बाधा
कोणाकूय जाता
अणभवाचें अमृत
थोड्यांकूच गावता

› › › ›

तूं येतलें म्हूण
कितले हे घावे
घाल्यात हांवें तोंडार ;
आयज खाडूच सारकें जायना

काडून उडय
सगळे नकार
सपन तुजें
जातलें साकार

› › › ›

पानां थरथरलीं
पावसाक
ज़शें मन म्हजें
उतरांक

› › › ›

सावलेचो घालून मांड
वाट पळयत
बसलां झाड

› › › ›

मनाचें मळब दाटलां
अणभवाच्या कुपांनी
उतरां येतात
घोग्यांनी

उतरां कुटीत
बसता किद्याक ;
अणभवाचें
सांबाळ नाक

०००००

सोऱ्याच्या सुतान
कितले इश्ट गुथले
सोरो घेवप सोडलें
आनी सगळे इश्ट तुटले !

›››››

बाटली आपयता
'पी म्हाका पी म्हाका'
भाग्य तापयता
'न्हय तुका न्हय तुका'

›››››

रखरखीत वत
आनी तोंडार फुटला घाम
'सुटाभितर' घुसमटून
जीव जाला जाम

कश्टाचें फळ
कितलें रोसाळ
सुकी जीण
जाता पिकाळ

○ ○ ○ ○

'फुडार आसा'
तोंडार म्हणटात
फाटल्यान आमचे
फोंड खणटात

› › › ›

कोणाच्याय नांवान हांगा
क़ोणेंय मारची मजा
बुकलो जाला राजा
आनी हुंदरांची प्रजा

› › › ›

गाढव म्हणटा ;
हांव जोडटां
हांव खातां
तुजें किदें वता ?

जितले सुस्कारे
तितलीं पातकां
येवजून लेगीत
पिडटात म्हाका

०००००

सगलेंच आसा
हाताभायलें
दुसऱ्याचे इच्छेन
आमी आयले

०००००

धवी तोपी
जाल्या बदनाम
गांधीक मारून
म्हणटात राम

०००००

एक व्हडली उडी मारून
तो न्हिदलो
जो चलत रावलो
तो मुखार पावलो

आमी सगळे
मोगाळ
आमचें उतर
रोसाळ

› › › ›

सगळी जीण
गेली व्हांवून
आसा तें
घे मानून

› › › ›

तो अभ्यास करता
कसलीच कटकट ना
ताची चूक कसली
ताका हांसूंक येना

› › › ›

भंय
एक रोग
निर्भय जावप
एक योग

नुस्तें, मटण खावचें
लोणचें समजून
भाजी पालो खावचो
शीत समजून

› › › ›

तांणी सगळ्यांनी मेळून
एक अहंकार पुजलां
खरो देव भयान बाबडो
गर्भकुडींत लिपला

› › › ›

जें येता
तें खरें
जाका हाडचें पडटा
तें रडें

› › › ›

म्हजे जिणेचो
हांवूच स्वामी
उतरां म्हजीं
अंतर्यामी

गांधीजीची
याद आयली
बोल्सांतल्यान
नोट काडली

› › › ›

"हें सगळें चल्लां किदें ?"
म्हजे म्हाकाच विचारतां
अहंकाराचो चड्टो जोर
खिणाभितर देवयतां

○ ○ ○ ○

म्हजो म्हाका
खेळयतां
आयलो दीस
केळयतां

› › › ›

सूख आनी दुख्ख
मनशाचीं दोन पाखां
एका पाखान उडूंक सोदता
तो आमकां नाका

काळोख जाला
भायर भितर
उजवाडाचें
येवं दी उतर

› › › ›

हांव म्हणटां
शिजोवन दी
मन म्हणटा
शिनून दी

› › › ›

नाटकांतूच
नाटकां आसात
ओग्गी रावून
पळयत बसात

› › › ›

काळजांतलो देव
म्हजो आमीग
देवळांतलो देव
मात्सो कोदीक

धरतरेच्या आंगणांत
चंद्राची पण्टी
सूर्य म्हणटा धरतरेक
तूं जाल्या जाण्टी

› › › ›

नातीं म्हणल्यार माती
खिणयाळो उजवाड
आनी मेणाच्यो वाती

› › › ›

सोदून भायर
जाले जाम
आतां सोदुंया
भितर राम

› › › ›

माळ्यान पिसुडची
फुलाची पाकळी
कवीच करता
कवितेक दुबळी

1516

अणभवांचें होमखण
उतरांची खाण
अर्थाच्या दिव्याक
उजवाडाचो मान

› › › ›

एकांताची
शक्त
आकांताची

› › › ›

आंग रडटा
घामाच्या दुकांनी
मानायाचे
कश्ट पळोवन

› › › ›

तानेल्ल्याक
दर्यापरस
बांय व्हडली

Konkani Language & Cultural Foundation (R.)
Mangalore

उज्याची न्हंय
व्हांवत आसा
हांव अजून
काठार आसा

› › › ›

देवाक मात्शी
लकण लागली
आनी
राजकारणी जल्मलो !

› › › ›

भांगरान बांदून घे
उतर कवीचें ;
पेटयेंत मात
दवरूं नाका

› › › ›

कोगूळ
तुजे सांगणेन गायना
दर्या
तुज्या तालार नाचना

मानाय
निवळ करता नरक ;
जातूंत रावंक येता
भाटकार
सर्ग समजून

› › › ›

भक्ती
इतकी पकदस्त
की देवाक झक मारीत
धांवचोच पडटा

› › › ›

उतरां कळनात
तेन्ना
अर्थाचे सूर
आयकुचे

› › › ›

भुरग्यांचें, घराचें,
म्हजें, सुण्यांचें
करता म्हणसर
तुजें म्हूण किदें उरता ?

धा कडेन
मरचेपरस
एका जाग्यार
जगप बरें

› › › ›

आमी म्हणयारे
देवाचे
आमचें उतर
निजाचें

› › › ›

नरकाच्या दारार
सर्गाची पाटी
मनशाच्या हातांत
पातकांची पटी

› › › ›

हातार मेंदी
पायांत चाळ
चंद्र तुज्या
मुखामळार

आमी मदूर
फुलावरी
आमी सादूर
सुकण्यावरी

०००००

जो करता
नक्कल
ताची शेणटा
अक्कल

› › › ›

अजून आसात पाठ
वेळेवयल्यो यादी
ल्हारांचें पांगरूण
आनी रेंवेची गादी

› › › ›

संवय एक वेसन
सुटून सुटना
संवय एक पिशें
वचून वचना

कोयत्यान
नाल्ल फुट्टा
उतरान
मन तुट्टा

› › › ›

आज हांव खूश आसां
खोस वाडोवंक पितां
आज हांव दुख्खी आसां
दुख्ख पचोवंक पितां !

› › › ›

आमी निजाचे
परधार्जिणे
आमचे परस बरें
दारांतलें सुणें

› › › ›

'ट' क 'ट' जोडून
कवीपण येना
चोरयेच्या दुडवांक
धनीपण येना

सर्ग दाखोवंक
वेंगेंत खेळय
नर्क दाखोवंक
सोंडार फुलय

› › › ›

रस ना जिणेंत
ना आवड कसली
फाटीर मारून भोंवतां
दुख्खाची पोटली

› › › ›

घरांतलो
ताप
दाराभितर
धाप

› › › ›

हांव दुख्खाची
संवय करतां
सूख कळचें म्हूण

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY

एकांताचीं उतरां
दोळे धांपून छाप
उतरांक लागना
मनाचें माप

› › › ›

पीराचो हात
दाखोवं नाका
कागदाचें कमळ
फुलोवं नाका

› › › ›

लोक 'निवडून'
दितात ते
फातरांतले तांदूळ
काय तांदळातले फातर ?

› › › ›

भक्ती आसा
शक्ती दी
सक्ती नाका
मुक्ती दी

सैम दिता
प्रकृती
मनीस करता
विकृती

० ० ० ०

फळ नाका
माती दी
झाड नाका
मुळां दी

› › › ›

जाल्लें गेल्लें
विसर पुता
वजें म्हजें
घे आतां

› › › ›

चवथीचे दीस
फोगोट्यांचो वास
गोयकारांक जातात
उजवाडाचे भास

हांव गीतकार न्हय
हांव कविताकार
अणभवाच्या पाशाणाक
दितां आकार

०००००

मन एक
फ्राक बिल्डींग
केन्ना कोणाचेर कोसळत
नेम ना

०००००

सगळ्यांचोच देव
भेश्टयता
आनी भिल्ल्यांक
कश्टयता

०००००

सोंड दी श्वासाखातीर
तोंड दी घासाखातीर
ताट दी पोटाखातीर
पाट दी ताटाखातीर

आकांत करूंक
वेळ नाका
एकांत घडोवंक
वेळ वता

०००००

पिल्लो मनीस
निवळटा
पियेनाशिल्लो
निवळणा

०००००

जीण
उदकावरी व्हांवता
स्वास
स्वासाक धरूंक धावता

०००००

आमच्याच जाळ्यांत
घुस्पल्यात आमी
हांव सोडयतां तुमकां
म्हाका सोडयात तुमी

"सब भुमी गोपाल की !"

गोपाल

केन्ना आसलो काय

सी. एम्. गोंयचो ?

› › › ›

सोदून गावतात

तीं खरीं नातीं

जशे

दर्यातले मोती

› › › ›

हो एकांत

न्हय जीवघेणो

हो एकांत

उतरांचो कणो

› › › ›

भायलो मोग

बावता

भितल्लो मोग

फुलता

ह्या काळखाक
आमी उजवाड म्हणटाले ?
ह्या पिशेपणाक
आमी गिन्यान म्हणटाले ?

› › › ›

काळोख खबर ना
उजवाडाक
कशे वळखतले ?

› › › ›

आपणाचेरूच खूश आसप
मनाचो एक रोग
दुख्खाक तोंड लिपोवन
सोसप सगळे भोग

› › › ›

गेले ते दीस
सरळ मार्गान चलपाचे
गेले ते दीस
मनीसपणान जगपाचे

फांतोडेचीं फुलां पळय
पावसांतलीं ल्हारां पळय
आपले भितर आपणाक पळय
कोण म्हणटा देव ना ?

› › › ›

आमकां नाका तें
आमकां न्हय तें
आमकां सोबना तें
आमकां किद्याक तें
आमी गोंयकार !

› › › ›

मोगाचे भाशेक
लिपी नासता
मोगांत कोणाची 'कॉपी' नासता

› › › ›

ही दनपार
घेवन येता
जीवखायरे धगीच्यो यादी

कृष्ण ना
अशें एक घर ना
राधा ना
अशें एक मन ना
राधेचो घोव मात
सोदून गावना !

० ० ० ०

पाडूक गिळटना;
मनशापरस
कितलो शांत हो हार
बुद्धाभशेन !

० ० ० ०

पाल
वण्टीक दसून म्हण्टा ;
हांव आसां म्हूण वणत आसा !

० ० ० ०

आयतें वीख
गावलां म्हूण
ओगीच फणो फुलो – फुलोवन
फोंसणां घालूं नाका

नाणें वाजता
हिरो वाजना
ल्हारां नाचतात
दर्या नाचना

०००००

आवयक चुकिल्लें पाडूक
हामेता
दुडवांक चुकिल्लो मनीस
घामेता

०००००

आपली आपणें
करची राखण
भायलें आंगण
सगळ्यांचें !

०००००

शिंगां दाखोवन
पुजून घेवपाची
रीत आतां सोंपली ;
शिंगां कापिल्ल्या बैलाचीच
पूजा आतां जातली !

दोळे बंद केलेबगर
कांयच तुका दिसचें ना
सगळें आसा आपले भितर
भायली नदर पावचीना

› › › ›

गोंयचीं आमचीं
पोन्नीं घरां
मनशां कमी
दारांच दारां

○○○○

मेंदू करता
देहाक अपंगूळ
मन करता
मेंदूक अपंगूळ

› › › ›

मुर्ती घडोवंक
बोटां जाय
मनां घडोवंक
उतरां जाय

खोट्या हिऱ्यापरस
खरें नाणें परवडलें

०००००

मरण सामकें सोपें
निबंधाभशेन
जगप खूब कठीण
गणिताभशेन

०००००

आयज खुबूच
भिरभिरतात
केंस तिचे वाऱ्यार
मन ना दिसता थाऱ्यार

०००००

जाका दुख्खाक
थातारूंक कळना
ताका सुखाचें तोंड
केन्नाच दिसना

दर एकल्याक दिसता
आपूण हार दुसरो गांयडोळ
आनी हांगाच जाता
सगळो गोंदोळ

› › › ›

अधीक म्हयनो कसो
तो मदींच आयलो
मनाचीं पाखां
हुमटावन गेलो

○ ○ ○ ○

बरो जावपाक
वाजेवं नाका
आपलें दुखव
सजोवं नाका

› › › ›

पुण्यवान पुण्य करिना
फकत सैमाक पालव दिता
पापी पाप करिना
फकत सैमाचे आड वता

जें आमी खातात
तेच आमी जातात
जाका आमी हापेतात
ताकांच आमी धापेतात

› › › ›

आंधळ्या, आंधळ्या,
पांगळ्याक तूं खांदार बसय
पांगळ्या, पांगळ्या,
आंधळ्याक तूं जग दाखय !

› › › ›

आमचेच भिरांतेची
आमकां पडल्या वंय
वेंग मार भंयाक
मोगाक भिता भंय !

› › › ›

कामान जाम
ताका न्हिदेंत सुसेग
न्हिदेंत घाम
ताका कामांत सुसेग

जाण्टो पावस झड्टा मजेन
तन्नो पावस दड्टा लजेन
जाण्टो पावस झडयता
तन्नो पावस गणयता

जाण्टो पावस बेबकाचेर
तन्नो पावस हतयाचेर
हत्ती शेत माडयता
बेबूक शेत कालयता

०००००

उजवाडाचो
निमणो थेंबो
चिवून घेतना;
दिसलो
हयन्हयसो
मळबकपलाचो
ताचो चेरो
ल्हारांच्या ओठांचो !

न्हय हांव

एक

सार्वजनिक बाग;

कोणेंय येवचें.....

केन्नाय बसचें.....

किदेंय करचें !

› › › ›

दर एका खिणाचो

एक एक घाय

म्हाल-घर बांदूंक घेतलां;

घायांचें !

› › ○ ○

घोव आसतना

कांयच करचें पडना

काय

घोवाक लागून

कांयच करूंक मेळना ?

सदांच केलो
दुडवांचो कोयर
कोयराचो आतां
दुडू कर

› › › ›

भुरगेपणांत
हांव हांसतालों
तस्सो तो हांसता ;
तेचखातीर ताचो म्हाका
चड भंय दिसता !

○○○○

कवितेक
धनाची आस ना
धनाक
कवितेचो 'त्रास' ना

› › › ›

इल्लीशी बावली
आल्तिनोचेर पावली ;
पिशॉल तुजें आल्त-माड
रंग तुजो सोदून काड !

स्वास हांव, भास तूं
बीज हांव, वीज तूं
मूळ हांव, तूं चंवर
अर्थ हांव, तूं वाणी
शैलजा शूलपाणी

० ० ० ०

कोगूळ लेगीत
आयज
कुत्र्याभशेन
बोब मारता !

० ० ० ०

नो लाईट्स
नो साऊंड
नो कॅमेरा
नो ॲक्शन
फकत..... सायलन्स !

› › › ›

मन तें ;
जें कोणाक घालिना "भीक"
आनी
खिणांत मागता भीक !

उश्टें मानल्यार
जगांत इश्टा,
उश्ट्याबगर कांयच ना ;
जल्म तुवें घेवचे आदीं
आवयन तुका उश्टयला

○○○○

मरण ना मळबांत
मरण ना मसणांत
मरण जगता दर खिणाक
जित्या - जिव्या काळजांत !

○○○○

जगपाची पिडा
मेलेबगर वता ;
मेल्ल्याचें सवंग घे
जीण पासार जाता

○○○○

उजवाती
परमळ फांकयतात ?
काय
घाण लिपयतात ?

जग तिडयता
मन फुलयता
पिसो उलयता
सत खुणयता

› › › ›

भायर सरून बेकार कसो
किद्याक भोंवूं जंगाक सोदीत ?
साटली - पोटली घेवन रावूंक
जग म्हजे आयलां कुडींत !

› › › ›

घरां बदललीं म्हूण
भोग बदना
मोगी बदललो म्हूण
मोग सादना

› › › ›

बायलेचो कृष्ण
घोवाची राधा ;
घराची बादा
आनी भुरग्यांचेर गदा !

तुवें येवचें
तूं येतलो
म्हूण कितें कितें केलें
आनी तूं हांगाच आसा !

○○○○

कितले बेगीन
बोवाळ घालतात हीं शेवणीं
रावात मात्शीं;
म्हजी फांतोड जावची आसा.....

› › › ›

मुठीयेंदें काळीज
मळबायेदें जाता
थेंब थेंब रगत दिवन
मेल्ले भुंयेक जागयता

› › › ›

झूज सोपलें
झुजप्यांचीं हाडां किल्ललीं;
आजुनूय हो कवी
तरसाद घेवन
वाऱ्या फाटल्यान कित्याक लागला ?

सदांच जाची चवथ
ताका चवथ लागना
देव जाच्या काळजांत
ताका देवूळ लागना

०००००

चिंतेची चिंता
आतां सोड शिरीमंता
मनाचीच कातर ती ;
जीण सगळी पिन्ता

०००००

खरो ध्यानी
विचारांक थांबयता तो
खरो कवी
ध्यानांत बरयता तो

०००००

फाटीवयलें कुबड
कुबड्यांवांगडा चलता ;
तसो म्हजो देह
मनावांगडा धोलता

मना, मना, आयकना ?
कोणाक रोग कोणाक रिणां;
मना, तुजीं भुरगेपणां
सरणारूय जळचीं ना

०००००

मन भोंवडायता जाणोवंक तुका
भौस म्हणल्यार आपूण न्हय
उतर म्हणल्यार मंत्र मरे
वेळेवयले फातर न्हय

०००००

दुकां झडोवन उडय एकदांचीं
जशीं सुकीं पानां
रुखाची ;
उरता ती पाचवी खोस
तुजी म्हजी सगळ्यांची !

०००००

निमाणें
जगपाची कलाय
शिकची पडली मनशाक ;
इतलो अडाणी प्राणी
जल्मलो तरी कित्याक ?

मनीस काय माकोड ?
आतां हांव वळखतां ;
भेसावेल्यान न्हय
दोळ्यांवयल्यान.....

› › › ›

बहिणामाय, बहिणामाय,
तूं कवितेची माय
उतरांत तुज्या दूद
आनी गिन्यानाची साय !

› › › ›

किदें केलें ?
पुनवेक जल्मलो
उमाशेंत जगलो
जिळमिळट्यार मेलो !

› › › ›

फुरशें सामकें बुरशें
दिवड मात्सो निवळ
सोरोप सोड्टा कात
मनीस करता घात

चित्ताची गती
वचूं दी ऊंच ऊंच
जातलो पती गणांचो
स्वता तूंच तूंच

०००००

मुखार शेत
एक दोंगोर
दोंगरार आसा एक कपेल ;
देवळाचे ज्युस्त कुशीक
आसा म्हजें कोल्ली जनेल !

०००००

भिकाऱ्याक दिसता
आपली भूक सगळ्यांत व्हड
गिरेस्ताक दिसता
आपलें दुख्ख सगळ्यांत व्हड

› › › ›

दुख्खूच जाका खबर ना
ताका सूख कशें कळटलें ?
दुख्खाक सूख म्हणटल्यांक
सूख कशें गावतलें ?

आपलो आपूण
नाचता मोर
मोरा नांवांन
मागता चोर

०००

काळखाक शीम ना
उजवाडाक आसता
दुख्खाक वंय ना
सुखाक घालची पडटा

०००

मन चड पिड्टा ?
उपाशीं दवर ताका
मनांत येता तें तें
तिडकीन करूं नाका

०००

पयलीं स्वताची कुरूपताय
मानून घे ;
मागीर दुसऱ्यांचें देखणेपण
आपशींच कळटलें

माडावयल्यान
उडी मारूंक जो भिना
तो केन्नाच
जीव दिना

› › › ›

जें जळटा
जें वाऱ्यान पडटा
जें उदकात बुडटा
तें सोडून किदेंय कर !

› › › ›

जिणेचो चिखोल - कालो
खूब जालो खूब जालो
स्वापांतल्यान सोड आतां
आपय म्हाका मार उलो

› ○ ○ ○

सद्दां उठून सोद्तां हांव
खंय गा म्हजी शेणल्या वाट ?
अजाप दिसता म्हण्टल्यांची ;
"गावली वाट ! गावली वाट !"

जिवीताचें एक एक पान
सोपत आयल्या शाई
म्हजे वांगडा ल्हवू ल्हवू
बदलत चल्ल्या सयी

› › › ›

पातळसो धुंवोर ;
पूजा चल्ल्या दिसता
चुरचुरो धुंवोर ;
कोण मेला दिसता

› › › ›

मना बाये,
म्हाका सांग
दुखता तुजें
खंयचें आंग ?

› › › ›

सुवार्थ पोटांत नासता
तो आसता मनांत
अध्यात्म ओंठांर नासता
तें आसता अणभवांत

कुरू काय बावलो
नाणें म्हज्या मनांत
केन्नाय घुस्पलो की
उडयतां मनांतल्या मनांत

○ ○ ○ ○

मळबाक
फुटल्यात झरे
उदक भरतात पोशांनी
कुपां आनी वारें

› › › ›

देव दिता
देवचार नाड्टा
सैम दिता
मनीस पाडटा

› › › ›

घड्याळीच्या काट्यांक लागना
कोण मेल्यात काल
तशे ते काळाचे
कळना तांची चाल

नवो दीस
कालची सोडली कात
नवो जल्म
चडयलो नवो फात

०००००

तो इतलो शेर्त की
चुकून लेगीत
चण्यांत
भिकण पडचें ना

›››››

ओंठार ना
पूण मनांत आसा
करणेंत ना
पूण काळजांत आसा

›››››

एक एक खीण
पेड्ड्यार जायत चल्ला
हांव त्या खिणांचीं
मडीं बांदूंक उरलां

सगळें बरें चल्लां
अशें म्हणत राव;
मनाचो फोंड
खणत राव

० ० ० ०

खऱ्याचें हांगा
खरेपण ना
फटकिऱ्यांक हांगा
मागचें पडना

› › › ›

रिकामी तकली
आनी रिकामी बाटली
दोनूय गडगडटात

› › › ›

मनीस इतलो
म्हान जावचो
ताचेमुखार देव
ल्हान दिसचो

लोकूच जेन्ना
मागतात हुकूमशाय ;
पांयांर पांय
आनी घायार घाय

› › › ›

रोग आसा
म्हळ्यार
जितो आसा.

› › › ›

हजार जाणांनी सांगलां
तेंच सांगचेपरस
ओगी रावप बरें

› › › ›

पिंजऱ्यांतली चानी
तसो भेरेला हांव
म्हजें म्हूण कांयच ना
फकत उरता नांव

हांवेंच म्हाका
आडयला
म्हाकाच हांवें
नागयला

› › ○ ›

सिनेमा काड्टा ?
कोणाक नाड्टा ?

○ ○ ○ ○

दूख कळची न्हय म्हूण
मनाक भेरयलें
दुखीवांगडा
सुखूय कळनाशें जालें

› › › ›

हांव सदांच फिरतेर
म्हजे भितरूच
जग म्हाका गावता
म्हजे भितरूच

ताका भूत दिसलें
आनी
ताणें मान्य केलें की
देवूय आसा

› › › ›

पूल मोडट्लो म्हूण
जो आलतड सोडीना
तो पलतडी पावना

› › › ›

नाका नाका म्हणसर
पावसान पडचें न्हय
बरो बरो म्हणटा म्हूण
मनशान फुलचें न्हय

› › › ›

सुक्या सड्यार पडला तो
आसूनूं राजयोगी
खपता हांगा खोच्यांनी
जें जें करता भोगी

पानां जाल्यांत
थतरवितर
रोकडोच येतलो दिसता
चंवर

› › › ›

गांवांवयली
घांट
सासायेचो
कांठ

› › › ›

सोऱ्याक आनी पॅत्रॉलाक
खंयच मरण ना
अमृत आनी तीर्थ
सोदून गावना

› › › ›

हो
सापशिडीचो खेळ
काय
मनशाचो वेळ

चिखलांत मुंगरून
पडलां मन
तरीय येता
खंयच्यान धन ?

› › › ›

फुलांचो गंध
आपयता
फळांचो रंग
आपयता

○○○○

दर एक गजाल
मनांत येता ती
उलोवंकूच जाय
अशें ना

› › › ›

देव जाला
काळखाची कोठयेकूड ;
भंय दिसलो की
थंय वचून लिपप

म्हजी कविता ;
हांव जितो आशिल्ल्याच्यो खुणो
उतरां सोडून उरता तो
बाकी हांव लुणो

› › › ›

झाडांपेडांचो जालो कोयर
दोंगोर खणट्ना
भुंयेन सोडलो आपलो जीव
भांगर सोड्टना

› › › ›

बारीकसाणेन पळयत जाल्यार
दुबाव मारता
देव नांवांचो कोणतरी
आमचे मदीं आसा !

› › › ›

देव पयलीं
चिखलाची संवय करता
मागीर
कमळ फुलयता

मन इतलें
चमत्कारिक की
ताचे इतलो व्हडलो
चमत्कार तो कसलो ?

› › › ›

म्हज्याच दारांत
भीक मागतां हांव
भीक घेवपी हांव
आनी भीक घालपीय हांव

› › › ›

'शॉर्ट कट्' ना
जिणेंतलो भोगूंक रोस
रातभर न्हिदलेबगर
फांतोडेची येना खोस

○ ○ ○ ○

एक तारूं पावतलें
एक तारूं उरतलें
जें तारूं पावतलें
तातूंत आमी आसतले ?

तूं
एक पावल मुखार घाल
तो
दोन पावलां लागीं येतलो

› ○ › ›

आपणाक कितें गावलां
तें हेरांकूय सांगचें
उतरांचे मंत्र
अनाड्याकूय कळचे

› › › ›

कोणूय मरतकीर
मेळूंक वतात
ते जिते आशिल्ल्यांकूय
मारतात

› ○ › ○

निराकाराक
आकार दिलो
की देवपण शेणटा

पोशांत
उदक घेवन
ताका दाखयलें हांवें
हो दर्या !

०००००

खंयचे दिकेन व्हांवता वारो
येतलो वारो वतलो वारो
स्वासांच्या फाटीर बसून
जिणेचो व्हांवता झरो

›››››

संथ लयींत
चल्लां सगळें
ना बंद
ना मेकळें

०००००

देव दिता
देवचार नाडटा
लोकांचे दुडू
कोण कोणाक वाडटा ?

मरप तें दुसऱ्यांनी
आपणें न्हय
जगप तें आपणें
दुसऱ्यांनी न्हय

› › › ›

सादय सम
सैमाकडेन
सगळेंच दिसतलें
तुजेवटेन

› › › ›

अमेरिकेचें उश्टें काडल्यार
म्हान म्हणटात
भारताची सेवा केल्यार
ल्हान म्हणटात

› › › ›

आकांताची
संवय ताका ;
एकांत
तिडयता

न्हावन धुवन
चक्क जालो
परतो मातयेंत
लोळपाखातीर

› › › ›

काळजांत जाता धस्स
उतर फुट्टना
मन जाता थतरवितर
अर्थाक सोदतना

○ ○ ○ ○

सपन अजून
सोपूंना
जाग कशी येतली ?

○ ○ ○ ○

एकलो स्वास घेता तेन्ना
दुसरो स्वास सोड्टा
एकलो जन्म घेता तेन्ना
दुसरो प्राण सोड्टा

जाण्टेपण
आयलें धांवून
तन्नेपण
गेलें व्हांवून

› › › ›

तेंगशेर
रावून पळय
दोळे भितर वळय

› › › ›

आपलेच शेपडेक
धरूंक धांवता
तो एकाच जाग्यार
घुंवत उरता

› › › ›

मुखार पडलां जग
आनी म्हज्यांत पडलां हांव
एका एका खिणांचे
सोशीत आसा घाव

न्हावन धुवून आयलो
मिर्गाचो पावस
पावसाची बोली
मोगाची भास

› › › ›

चिंतेचो जोर
चडटा
जिणेची तकली
फोडटा

○ ○ ○ ○

चाबकान मारता
काळजाक कोण ?
काळजांत लिपला
दुख्खाचो फोंड

› › › ›

फूल भोंवना
परमळ भोंवता
मनीस धांवना
मन धांवता

निमणी उरता
ती पवित्रताय
बाकी सगळ्याक
चुडटी लाय

› › › ›

मनान जो चलना
मनाक जो भियेना
मोख जाची म्हान
तोच बलवान

› › › ›

विचारांचें पॅत्रॉल
मनाच्या उज्यार
उतरांचो धुंवोर
हुबत आसा वाऱ्यार

› › › ›

हांव कोणूच न्हय
हें कितलें बरें !
हांव कोणूय जाल्यार
तुका त्रास न्हय रे ?

विचार करपाची
ताक जंय सोपता
थंयच पिशेपणाक
सुरवात जाता

०००००

कितलेशे जाण
मेल्ले
फोनाचे डायरेंत
उल्ले

०००००

सुखाचो ह्या
दुबाव येता
दुख्खाक घेवन
सूख येता

›››››

किदें करपाचें
सगळें करून जालें
आता खंत ना
हें उल्लें तें उल्लें

रातभर रकलो पावस
हुंवार आयलो ना
उतरां पडलीं घोग्यांनी
काळीज हाल्लें ना

› › ○ ›

स्वामी म्हणल्यार
स्व-आमी
विश्व आमचें
अंतर्यामी

› › ○ › ›

वखद म्हूण फिरप
वखद म्हूण जेवप
वखद म्हूण जगप
आनी बरो जालो की मरप

○ ○ ○ ○

ब्रह्मांडाचो खेळ
आनी मनशांचो मेळ
कोणाक आसा हांगा
स्वताखातीर वेळ

राजकारण्यांची
पळोवन गिरेस्तकाय
दोळे वरशे करून
घामेता लोकशाय

०००००

कालची हुनसाण
आयज नाका
नवें उदक तापोवया
कालचीं शापोतां आयज नाका
नवीं उतरां घडोवया

०००००

शाळेंत आसतनाचो
म्हज़ो फोटो हांव पळयतां
म्हजें भुरगेपण
म्हाका खेळयता

›››››

पसऱ्यार वता ?
एक कील खोस घेवन यो ;
खूब तेप जालो
खूश जावन

चार वळींची कविता
कोणा बापायचो फात न्हय
तुमका बरोवंक येना
ही आमची चूक न्हय

०००००

जाका दुख्खाक
थातारूंक कळना
ताका सुखाचें तोंड
केन्नाच दिसना

०००००

गिन्यानाचें म्हत्व
जाका कळना
ताचे वटेन सूख
वळोवनूय वळना

०००००

नदर जाय
पळोवपाची
चलप - उलोवपूच सांगता
वळख मनशाची

उदकाची चूक धरी नात आमी;
उदकांत कोणूय बुडल्यार
मरणाची चूक कसली
एकदां जल्माक आयल्यार ?

○○○○

थोडे उडटात
थोडे दडटात
थोडे जोडटात
थोडे नाडटात

› › › ›

धांवत्या व्हड्यार
मार उडी
वाऱ्या वांगडा धांवून
लाय तुजी घुडी

› › › ›

फूल दिसता
वास दिसना
देह दिसता
आत्मो दिसना

मुदी दसली
बोटाक
जशें मन म्हजें
देहाक

› › › ›

एकेच आदोळेर
सगळ्यांक उजरायले
कोण शेणले
कोणाक शेणयले

› › › ›

मोनी उतरां
उलोवपाक लागतात
'म्हाका बरय' म्हूण
फाटल्यान लागतात

› › › ›

हांव सुखी जालां
सगळे येयात
हांव दुखखी आसां
मात्शे रावात

पश्चात्तापावरी

ना ख्यास्त

दुसरी

› › › ›

अणभवाचो आशय

दुदावयली साय

उतरांच्या तोंडाक

पेनातली शाय

› › › ›

पेटिल्ली मेणवात

व्हांवता वयर

उरफाटी केल्यार लेगीत

वयर

› › › ›

एकांताक

आमीग कर

मनाक तुज्या

चिमटेंत धर

'जाण्टीं आमी
जाय जाय म्हणटनाच मरचीं
नाका नाका जायसर
उरचीं न्हंय'

› › › ›

हांव जालां
मृदंग
हेवटेन तूं
तेवटेन तो

› › › ›

कोयर आसा थंय
तण फुलना
भंय आसा थंय
सूख फुलना

› › › ›

स्वास घडयता
प्राण
मन करता
घाण

मोगिकेवांगडा बसल्यार
एका वराचें मिनीट जाता
पेट्टे चुलीर बसल्यार
मिनटाचें वर जाता

› › › ›

अती शांती
एक
अशांतीच

› › › ›

भक्त आसाच .
फकत
कोणाचो तें
थारपाचें आसा

› › › ›

भितल्ली घुस्मट
भितरूच उरता
मनाची भूंय
भूंयकापान हालता

सगळें बरोवन सोंपलें
एकल्याखातीर
खूब कितें उल्लें
दुसऱ्याखातीर

०००००

कोणाकूच ना
खोलाय
मनीस जाला
सवाय

०००००

तत्वांलागीं
खेळूं नाका
सत्याची वात
पालोवं नाका

०००००

बेगीन
जागो जावं दी
आनी उजवाडान
भरूं दी
हो सपन - काळोख

मुखांनी जोडचें
खोऱ्यांनी
मोडचें पुंजोवचें
कवींनी

› › › ›

उतरांचे
फवारे नाका
अर्थाचो
नितळ झरो पुरो

› › › ›

सोबता
तें करचें
चितूं नाका
फायचें

› › › ›

एकांत
देवाचें संगीत
नि:शब्द
देवाचें गीत

येवजून येवजून
येता
मनाक चाळोवन
वता

००००

आपल्याच विखान भरिल्लें
अन्न खाल्यार
सोरपाक
बाधा जायना

००००

दुख्खाचो अभाव
आनंद
उजवाडाचो अभाव
काळोख

००००

दिसभर तापयता
सांजवेळार आपयता;
सूर्य

आरती ओंवाळपाच्यो
थंय
मीठ ओंवाळचें
पडलें

० ० ० ०

राजकारणी जाल्यात
भुरग्यांभशेन
आत्तां हेवटेन
आत्तां तेवटेन

› › › ›

कलाकृती पयलीं
मागीर कलाकार
पयलीं दिता आकार
मागीर जाता साकार

› › › ›

येवजून येवजून
जालां बेजार
परत एकदां
जावंया काजार

तुळशी लग्न ;
कृष्णाचें
एक प्रकरण
भरता
आमकां

› › › ›

आवयच्या तोंडार
पळयलें हांवें
म्हजें म्हातारपण

› › › ›

भुकेल्ल्याक
'टेस्ट' नासता
निर्शेल्ल्याक
घोस्त नासता

› › › ›

कोणा नांवान
मारता बोब?
सगळ्यांचीच हांगा
पडल्या बोब

उतर आमचें
फातर न्हय
दोन मनांची
कातर न्हय

०००००

जिणेचे रंग
बदलत आसात
ओग्गी रावून
पळयत बसात

०००००

म्हातारपण बेगीन जाय ?
मरणाची वाट पळयात
तन्नेपण उरूंक जाय ?
मरणाचेर खोट मारात

, , , ,

व्हडलो बाबा
देवाक उलो मारता
"देवा रे ऽ ऽ "
आनी आपुणूच म्हणटा
"ओ ऽ ऽ "

सळसळत
धांवता काळ
कोणाक गाळ
कोणाक माळ

०००

देव म्हणल्यार
एक मोनजात
आमी जोडपाचे
फकत हात

०००

जितलो
तेंगशेर चड्टा
तितली दरी
वाड्टा

०००

कृष्ण म्हणल्यार
कर्षण
कर्षण म्हणल्यार
आकर्षण

मनाक धरून
भायर मार
दुख्खाची
मनय हार

०००००

चड गोड खाल्यार
गोडाक मन विट्टा
तींच तींच गाणी आयकून
लता लेगीत पिड्टा

›››››

तूं कट्टें
हांव कासव
तुजे राखणेंत
घेतां विसव

›०००

मन
तोडटा
काळीज
जोडटा

सैमान दिल्या
कूड
आमी लायतात
चूड

› › › ›

जाच्या घराक
उजो लागला
ताका
पायांतलो काटो दुखना

› › › ›

गणेशा आयलो अंदूंय ?
उतर तुजें
माटोळेक बांदला हांवें
मन म्हजें

› › › ›

चड गोड खाल्यार
रोग जडटा
सुखाच्या आड
दुख्ख रडटा

हांव विरोध
करिना
हांव येवकारूय
दिना

› › › ›

मनाचो अदमास
सदांच चुकता
काळजाचो उलो
वेळाक पावता

› › › ›

केल्ली चूक
पिडटा
मागीर मनीस
रडटा

› › › ›

इल्लीशी चूक
आनी
केदी ही ख्यास्त !

गेले ते खीण
मेले
नव्या खिणांचे
कोम आयले

› › › ›

सुरकुतिल्ल्या पोल्यार
जाण्टेलेचीं दुकां
जाण्टेली म्हणटा
मोग जाय म्हाका

› › › ›

भूतकाळाचीं
भुतां नाचोवन
वर्तमानाक
फटोवंक नाका

› › › ›

मेळ्यलें
हाच्या सुखापरस
मेळ्ळें ना
हाचें दुख्ख व्हडलें



जांबय काडटना
हाय राम
मरतना हे राम
जीण जगतना मात
रामाक राम राम

० ० ० ०

भुरग्यांच्या फार्टीर
वजें
आनी मास्तर खाता
खाजें

› › › ›

जाचें पाठांतर
चड
ताचें चलना
बॉड

› › › ›

चड गोड खाल्यार
ताळ्याक बसता माट
चड आशा केल्यार
जिणेची लागता वाट

म्यानांतल्यान
तरसाद भायर काडची
तशें हांव पेन काडटां
आनी निळ्या रगतान बरयतां

› › › ›

न्हालो धुलो
लिप्प जालो
पर्थो लोळूंक
मेकळो जालो

○○○○

कितलीं
हीं भजनां
देव काय
भज ना

› › › ›

जितेपणी
जाय आसतात
ते
मरणाक जमतात

फेस्ता पयलीं फाम
दिल्लीं उतरां मोडून
मंत्री जाला जाम

› › › ›

एका पानार
पयलो वाडदीस
दुसऱ्या पानार
मरण

› › › ›

तें प्रसादाक गेलां
देव पाकळी दिना;
म्हणटा
खूब उशीर जाला

› › › ›

मनांत
कांटे
काळजांत
फुलां

रेवेंच्यो
वण्टी
रेवेंत
वितळ्ळ्यो

› › › ›

थंड निवळ
गोंयचो वारो
दुयेंत लेगीत
जाता बरो

› › › ›

तेंच तेंच
बरोवं नाका
तत्वांलागीं
खेळूं नाका

› › › ›

चलत्यो भोंवत्यो
मातयेच्यो वण्टी
मातयेभरवण
जाल्यो

आतांच भट

न्हांवपाक गेला

वाट पळयत

देव बसला

› › › ›

काळजांत

एक कळ

आनी मरता

सगळें बळ

› › › ›

अपयश ना

म्हणल्यार

यश आसुंकूच जाय

अशें ना

› › › ›

कोगूळ

गायता

मन म्हजें

जळटा

तुका जमलें तें
म्हाका जमतलेंच अशें ना
म्हाका जमतलें तें
तुका जमतलेंच अशें ना

› › › ›

प्रकृतीक
विकृती समजलों
आनी हांगाच हांव
फोंडांत पडलों

› › › ›

मरण गळ्यांत
घालून भोंवतां;
मरणाक पुराय
विसरून जगतां

› › › ›

गिरेस्त म्हणटा
देवा म्हाका पाव
भिकारी म्हणटा
घालात एक पाव.

हो न्हिदलां
काय ध्यान करता ?
हो कुड्डो
काय दोळे धांपून चलता ?

› › › ›

गोड खावंक जायना
म्हूण गिरेस्त रडटा
गोड खावंक मेळना
म्हूण गरीब रडटा

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 001516

› › › ›

बोल्सांत
ना दमडी
पॉज मात
व्हडली

› › › ›

देवा,
तांकां माफ करूं नाका
कारण ते कितें करतात
तें तांकां कळटा

› › › ›

म्हजी दिश्ट
लागिल्ली जाल्यार
मगळ्या संवसाराचो
गोबोर जावपाचो

, , , ,

तणा तणा तासो
घुबू घुबू धोल
काजूवरी चंवरून येतात
शिगम्याचे बोल

, , , ,

म्होंवां पोळ्याचेर
मूस जमतात
तश्यो देवाक
गाडयो जमतात

, , , ,

एक पावल चुकल्यार
फुडलीं
शंबर पावलां
चुकतलीं

केल्ली चूक
पिड्टा
म्हाकाच हांव
विट्टां

०००००

मरण
सांगून येना
जीण
मागून येना

०००००

तूं दितना
भंय दिसता;
बदल्यांतं किदें
घेतलो काय ?

०००००

दादलो म्हणल्यार
मेणाचो गुळो
मोगिकेचे धगीन
पघळटा

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
1361

LIBRARY
WORLD KONKANI CENTRE
Shakthinagar, Mangalore.

No: Acc. No:

Issued on	Borrower's No. And Signature	Returned on

G

WORLD KONKANI CENTRE,
SHAKTHINAGAR, MANGALORE

TITLE : एकांताचीं उतरां
Ekantachim
Utaram

WORLD KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D. K.

Acc. No. _____

1. Books lost, torn, defaced, marked or damaged in any way shall have to be replaced by the borrower.
2. Books issued can be recalled at any time, if necessary.

HELP TO KEEP THIS BOOK
FRESH & CLEAN

'एकांताचीं उतरां' ह्या कविता झेल्यातल्यो कवी सुदेश शरद लोटलीकार हाच्यो कविता म्हणल्यार वादळ वा दडक उलगले उपरांत थंडायेत एक एक करून पडपी ओथांब्यां वरी. ह्या झेल्यांत एकांताचेरूच कांय कविता आसात. देखीक,

एकांत
सुखाचें देणें
एकटेपण
एक दुखणे

दर्यादेगे वयल्यांन दर्या उंचबळ दिसता. पुण तारूं दर्यांत भितर व्हरूंन पळयात, दर्या संथ, धीर गंभीर दिसतलो. दर्याचो हो 'मूड' 'एकांताच्या' कांय 'उतरांनी' अचळय देंवला.

'एकांताची उतरां' तलो कवी पयस एकांतांत शांत. देखून तो साक्षात्कारी मनशां वरी इल्लोसोच उलयता. मातूय अनमन नासतना, कवीच्या अधिकारान तो सांगता,

विचार म्हळ्यार वखद
कविता म्हळ्यार म्होंव
हांव म्होंवांतल्यान वखद दितां;
मनाचो जोर काडूंक

हो 'अधिकार' होलमल्ल्यान कवीचीं उतरां मदीं मदीं म्हणींचें रूप घेवन येतात, देखीक -

ल्हारांवांगडा खेळटा
तो वेळेरूच उरता
न्हंयेवांगडा व्हांवता
तोच दर्यांत पावता

जिवितांत खोलायेन देंवंक सोदपी मनशाक संवसारांत रावनूय संवसारा भायर रावंक येवंक जाय. संवसारांत रावनूय जो आपणाक तातूंत घुसपावन घेना ताकाच संवसाराचीं सगळीं धोंगा - पोंगां दिश्टी पडटात आनी ह्या धोंगा-पोंगांचीं फकाणांय मारूंक येतात. सुदेशाक ही संवसारा भायर रावपाची कळाशी बरी सादल्या हातूंत दुबाव ना.

सुदेशाक 'एकांता' चें भाग्य मेळूं. ताची उतरांची सादना खंड पडनासतना चलत उरूं आनी कोकणी सरस्पत समृद्ध जायत वचूं अशें मागणें.

- पद्मभूषण रवीन्द्र केळेकार